**गोंय राज्यांतल्या ज्येश्ठ नागरिकांच्यो गरजो पुर्ण करपाक मजत करपा खातीर हेल्पलायन सुरू करतले**

ता. 1 ऑक्टोबर 2024

गोंय राज्यांतल्या ज्येश्ठ नागरिकांच्यो गरजो पुर्ण करपाक आदार दिवपा खातीर ELDERLINE ही हेल्पलायन सुरू करपा खातीर समाज कल्याण संचालनालयान आयज अलंकीत असायनमेंट ली. हांचे बरोबर समजीकाय कबलात केली.

ELDERLINE 14567 ही राष्ट्रीय हेल्पलायन भारत सरकारान ज्येश्ठ नागरिकांक मजत करपा खातीर सुरू केल्लो उपक्रम आसून ह्या राष्ट्रीय उपक्रमाची अंमलबाजावणी राज्यां आनी संघप्रदेशांच्या सहकार्यान करपा खातीर सामाजीक न्याय आनी सशक्तिकरण मंत्रालय नोडल मंत्रालय आसा. ही हेल्पलायन टॉल-फ्री आनी 24 वरां कार्यरत आसून ज्येश्ठ नागरीकांक वायट प्रसंगाच्या वेळार आवश्यक म्हायती, मार्गदर्शन, भावनीक आदार आनी प्रत्यक्ष हस्तक्षेपाची मजत फुकट दितात.

आयज रविंद्र भवन, मडगांव हांगा "आंतरराष्ट्रीय ज्येश्ठ नागरिक दीस" कार्यावळीत समाज कल्याण संचालनालयाचे संचालक श्री. अजित पंचवाडकर आनी अलंकीत असायनमेंट ली. चे उपाध्यक्ष श्री. संजय भट हांणी ELDERLINE हेल्पलायन सुरू करपाच्या कबलातीचेर सय केली.

ह्या वेळार उलयतना आमदार श्री. दिगंबर कामत हांणी सांगलें, सध्याचो भारत हो युवा राष्ट्र आसा, पुण फुडल्या 10 वर्सांत होच भारत ज्येश्ठ नागरिकांचो देश म्हूण वळखपात येतलो, कारण ज्येश्ठ नागरिकांचो आंकडो दिसपट्टी वाडत आसा. आयज ज्येश्ठ नागरिकांच्या गरजां कडेन लक्ष दिवन त्यो पुर्ण करपाची गरज आसून ही प्रत्येकाची जबाबदारी आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

समाज कल्याण सचीव श्री. ई. वल्लावन, उपसंचालक श्री. सिताराम सावळ, सहाय्यक संचालक श्रीमती प्रद्न्ना देसाय आनी श्रीमती रश्मी रावळ आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

अलंकीत असायनमेंट ली. चे उपाध्यक्ष श्री. संजय भट हांणी ELDERLINE हेल्पलायनी विशीं म्हायती दिली.

"आंतरराष्ट्रीय ज्येश्ठ नागरिक दीस" कार्यावळीत ज्येश्ठ नागरीक सुर्याकांत नायक देसाय, आयडा रोज मिलर मुखर्जी, चंद्रनाथ धुमे, श्रीपाद पालयेकर, रोहिदास हरमलकर, देवकी गांवकर, अजित हेगडे, आवेलिन्हो मास्केरेन्हस, अरविंद वाडिकर, चंद्रकांत माईणकर, माधव प्रभूदेसाय, गीतांजली देसाय, शांताजी नाईक गांवकर आनी शशिकांत केरकर हांचो सत्कार केलो.

समाज कल्याण संचालनालयाचे संचालक श्री. अजित पंचवाडकर हांणी येवकाराच्या भाशणात ज्येश्ठ नागरिकांखातीर खात्यावतीन अंमलबजावणी करपात येवपी येवजण्यांची म्हायती दिली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/538

--
--------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.